कर्नाटक सर्कार

# येया, कोंकणी शिकुंया –२

# 10 वे वर्गाक

## कोंकणी तीसरी भास पाठ पुस्तक

## भाग – 2

**10th Std. Konkani Third Language**
**Text Book**

**Karnataka Textbook Society (R.)**
6th Cross, Malleshwaram
Bangalore - 560 003.

# मांडावळ

Q5Y6E8


| क्र. सं. | | विषय | पानसंको |
|---|---|---|---|
| १०. | पद्य – | पांयजणां | ०१ |
| ११. | गद्य – | देवान दाकायलो उपाय | ०६ |
| १२. | पद्य – | भागी म्हजो गांव | १५ |
| १३. | गद्य – | परिसर राकोण | २१ |
| १४. | पद्य – | आमी कोंकणी | २४ |
| १५. | गद्य – | मेडं मॅरी क्यूरी | ३० |
| १६. | पद्य – | आवय भारत | ३४ |
| १७. | गद्य – | तुळवे मातियेची धूव – अब्बक्का देवी | ४० |
| १८. | पद्य – | चारचोवगां मान ना | ४४ |

पाठ–१०
पद्य

# पांयजणां



त्या दिसा वडाकडेन गडद तीनसणां
मंद मंद वाजत आयलीं तुजीं गो पांयजणां

मौन पडलें सगळ्या राना
शीरशिरून थांबलीं पानां
कंवळी जाग आयली तणा झेमता झेमताना

पैसुल्यान वाजली घांट
दाटलो न्हंयचो कंठ कंठ
सावळ्यांनी घमघमाट सुटलो त्या खिणा

फुल्यो वैर चंद्रज्योती
रंध्रांनी लागल्यो वाती
नवलांचीं जावंक लागलीं शकून लक्षाणां

गळ्यां सुखां, दोळ्यां दुखां
लकलकलीं जावन थिकां
नकळटना एक जालीं आमी दोगांय जणां

वडा फळांच्या अक्षतांत
कितलो वेळ न्हायत न्हंयत
हुपले कितले चंद्रलोक, इंद्रनंदनां

तांतलें कांय नुल्लें आज
सगळी जिणी आयल्या सांज
तरयी अकस्मात तुजीं वाजतीं पांयजणां

कान्सुलांनी भोंवती भोंवर
आंगार दाट फुल्ता चंवर
पडती केन्ना सपणां तीच घट्टी जाग्रणा

**–बाकिबाब बोर्कार**

परिचय: बाकिबाब बोरकार (१९१०–१९८४): पद्मश्री बालकृष्ण भगवंत बोरकारन मराठी, कोंकणी, इंग्लीश, हिंदी तशें पुर्तुगेज भासांनी चाळिसां वयर पुस्तकां बरयल्यांत. पांयजणां, सासाय आनी कंठमणी कोंकणिंतले तांचे काव्यसंग्रह. तांच्या सासाय पुस्तका खातीर १९८१ इस्वेंत केंद्र साहित्य अकाडेमी थावन ताका पुरसकार लाभला.

आशय: जातीन ल्हान तरयी कलवंतांचीं पांयजणां प्रकृतेक आनी लोकाक उल्लासीत करतात. देकून आमी हेरांची जात–धर्म पळोवच्या बदलाक, तांची कला मात्र पळोचें म्हळ्ळें हे कवितेचो उद्देश.

अभ्यास

**I. उत्रांचो अर्थ**

वडाकडेन = वडा रुका लागीं;

गडद = गडद;

तीनसणां = मेळ मंद

मंद = हाळवायेन;

शीरशिरून = कांपून;

थांब = राव

कंवळी = अछानक, एकाच्चणें;

पैसुल्यान = पयशिल्यान;

दाटलो = चड जालो;

कंठ कंठ = तड, गळो;

रंध्र = बुरक, धोंपळो;

नवलां = अजाप;

शकून = शुभ;

थीक = मोलाधीक फातर;

नकळटना = सुटताना;

नंदन = इंद्राचें उद्यान;

अक्षात = हळदी, कुंकूम भर्शिल्लो शुभ कार्यांनी वापरचो तांदूळ नुल्लें = उपकारना;
भोंवर = भ्रमर चंवर =फुल्ची प्रक्रिया;

पडती = पडतीत;

घट्टी = बळाधीक, स्वाधीक

**II. सकयल्या शब्दांचें लिंग बरय**

१. रान – ☐

२. वान – ☐

३. चंद्र – ☐

४. फळां – ☐

५. घांट – [ ]

६. अक्षत – [ ]

**III. अन्यवचन रुपां बरयात.**

पांयजणां – [ ]

पान – [ ]

घांट – [ ]

वाती – [ ]

थिकां – [ ]

जिणी – [ ]

सपणां – [ ]

भोंवर – [ ]

**IV. रिती सुवात भर**

१.मंद मंद [ ] आयलीं.

२. फुल्यो वैर [ ]

३.सगळी [ ] आयल्या सांज.

४.अकस्मात तुजीं वाज्रीं [ ]

५.कान्सुलांनी भोंवती [ ]

**V. एक वाक्यान जाप दी**

१.पांयजणां कवितेचो कवी कोण?

२.पांयजणां कशीं वाजत आयलीं?

[ ]

३.खंयसर मौन पडलें?

[ ]

४.पयशी कितें वाजलें?

[ ]

५.भोंवर खंय भोंवतात?

**VI. दोन-तीन वाक्यांनी बरय**

१. सगळें रान आनी तण पांयजणां आवाजाक कितें जालें?

२. चंद्र ज्योती पळेल्या त्या क्षणा विशीं तुमच्या उत्रांनी बरया.

३. घट्टी जाग्रणां कित्याक सादलां?

**VII. आठ-धा वाक्यांनी बरय**

पांयजणां कवितेचो सारांश तुमच्या उत्रांनी बरया.

**VIII. पद पुर्ती कर**

फुल्यो वैर ..........................

..................................................

..................................................

...................................................

.................................................

................................. दोगांय जणा

**IX. नियोजीत वावरः**

आभरण वावर करच्या कोंकणी समुदाया विशीं माहेत आराय.

**X.** सकयल्या नांवां पयकी पुल्लिंग, स्त्रीलिंग आनी नपुंसकलिंग नामांची विविंगड वळेरी कर.

पांयजण, घांट, भोंवर, सांज, वेळ, सपण, जिणी, फळ, दोळो, वात, थीक, न्हंय, रान, चंवर

पाठ – ११
पद्य

# देवान दाकयिल्लो उपाय

C1C2V9

देव आमका थोड्या अडचण्यांनी सांपडायता. हें आमच्या बरयाकच म्हळ्ळें सत म्हजे थंय उगडापें जालें



कशें? सदां पेल्याचे बूक मागून हाडून, तांतले छापलले अवस्वर वरानवरा बसून नकल काडचें तें हांवें करनातल्या गुन्यावाक प्राचिताची शिक्षा अशें म्हाका सूरविल्या थोड्य दिसांनी भोगलें तरयी, शिकपाच्या अभ्यासाक हाच्याकयी बरी आनी सलीस रीत दुसरी ना म्हळ्ळो गूट म्हाका मेळ्ळो. एकडच्यान नव्या बुकांक दीवंक जाय आसल्ले पयशे बचाव जाले. दूसऱ्यान हाचाकयी सबार वांटे चड आदाय लाभलो. छापलल्या पुसतकांतलें एक पाठ तीन चार पावटीं तोंडान वाचून अभ्यास करच्या प्रास तेंच एक पावट

बरोवन नकल काडचें बरें. मात्र न्हय, बरयताना तांतलें हर वाक्य, वाक्यांतलो प्रती शब्द शब्दांतलें प्रती अक्षर मनांत बरयिल्या बरीं खंचता आनी तशेंच ऊरता. वयल्यान हात बरप चुरूक, नाजूक आनी चुकिंवीण जाता. पाठांतुल्या चड वांटो अर्थ पयलेंच कळता. समजनातल्लें फाल्यां श्शाळेंत शिक्षिकान विवरायताना परिपूर्णतातेन समजता. अशें समजल्लीं पाठ वगी विसरनांत. परीक्षेंत सवाल वाचलल्या फरा बूक उसोवन दाकयिल्या बरीं जाप उगडासाक येता आनी बरोवंक सलीस लाग्ता.

त्या काळार परिक्षेचीं सवलां आतांचे बरीं छापल्लीं वांटिनासल्लीं. शैक्षक बोर्डार बरयताली. ताणे बोर्डार दुसरे सवाल बरोवन तीसरे सुरू करताना हांव पयल्या सवालाची जाप बरोवन सोंपयतालों. तीन वरांनी बरोव्येत त्यो जाप हांव दोनच वरांनी बरोवन जाप पत्र शिक्षिकेक दीवन घरा वतालों. हेर सबार भुर्ग्यांक तीन वरांय पावनासता एक दोन सवलां सोडताले खंय!

अशें देवान म्हाका दाकयिल्या उपाया द्वारीं शिकप तें इतलें सलीस आनी हळू आसलें, शाळेक वचनासताना घराच शिकून, खासगेन परीक्षा दीवन पास जाव्येत तितलें धैर आनी

विश्वास म्हाका भोगलो. प्रतिफळ म्हजेच निरीक्षे भायलो जालो. तीनयी परिक्षेंनी म्हजो फलितांश भुर्ग्यांकच न्हय, शिक्षकांक विस्मीत करुंक लागलो. पयले परिक्षेंत सर्व सबजक्टांनी ७० मिकवल्ले मार्क, दुसरेंत ८०; तिसरेंत ९०. गणितांत शेंबरांत शेंबर. तिनांनी पयलें रेंक आनी इनामांचीं कार्डां म्हाकाच.

हो मार्कांचो असामान्य धाकलो देकलेल्या शिक्षकान शाळेचे हेड मास्टर आनी मेनेजन म्हाका डब्बल प्रोमोशन दीवंक जाय म्हणून डी.ई.ओ.क(जिल्ला विद्याधिकारी) शिफारसेचें अर्जी पत्र धाडलें. तेदनांचो अधिकारी आसल्लो एक वर्तो फुडारी आनी कोंकणीचो पोशक. ताणें डब्बल प्रोमोशन आक्षेपा विणें मंजूर केलें. अशें हांवें सातवे थावन हायस्कूलाचे ९–क उडी मारली.

हो विशय काल्पनीक न्हय, पुरावे आसात; साक्षी आसात; हांवें हांगा बरयलां म्हजे दवलतेक न्हय बगार आतांच्या युवजणांक हाचे थावन प्रेरण आनी उत्तेजन लाबूं म्हणच्या बरया उद्देशान.

**–जो.सा. अल्वारीस**

**परिचय:** कोंकणी कादंबरिकार जो.सा. अल्वारिसाच्या म्हज्या जिविताची चरित्रा म्हळ्ळे आत्म चरित्रेंतलो एक वांटो.

**बरोवप्याची वळक:** जो.सा. अलवारीस कोंकणीं कादंबरेंचो बापय म्हण नांवाडला. आपली जिणिये कथा ताणें म्हज्या जिविताची चरित्रा म्हळ्ळ्या आत्म चरित्रेंत बरयल्या. हो पाठ म्हज्या जिविताची चरित्रा पुसतका थावन विंचल्या.

**आशय:** जिणियेच्या वेवेगळ्या संग्तिंनी नवें, प्रयोगशील चिंतप करून तें जारियेक हाडलें तर प्रतिफळ लाभता म्हळ्ळें जो.सा. अलवारिसाच्या जिण्ये दृषटांता थावन कळून येता. बरोवन शिकयल्याचो फायदो बरोवपी विवरायता. देवान करचें आमच्या बरयाक म्हण हें लेकन दाकयता.

अभ्यास

## I. कठिण शब्दाचो अर्थ.

अडचण्यो = अडकळी
उगडापें = उग्तें
गुन्यांव = चूकी
द्वारीं = वर्वीं
सलीस = सुलभ
खासगेन = गुपीत, एकांत
निरीक्षा = अपेक्षा
विस्मीत = अजाप
फुडारी = मुकेली
अवस्वर = अध्याय
प्राचीत = प्रायश्चीत पांवचें, चुर्चूरचें

**II. अन्यलिंग शब्द बरय.**

धाकलो: शिक्षक – शिक्षिका

| | | | | | |
|---|---|---|---|---|---|
| मेस्त्रीण | – | | व्हडील | – | |
| भुर्गो | – | | लेखक | – | |

**III. अन्यवचनां बरय.**

| | | | | | |
|---|---|---|---|---|---|
| १. जाप | – | | २. साक्षी | – | |
| ३. पत्र | – | | ४. पुरावो | – | |
| ५. अडचण्यो | – | | ६. वर | – | |
| ७. क्लाशी | – | | ८. इनाम | – | |
| ९. लिसांव | – | | | | |

**IV. एकामेका मेळय**

| | | | |
|---|---|---|---|
| १. | ७० | अंयशीं | |
| २. | ८० | शेंबर | |
| ३. | ९० | सत्तर | |
| ४. | १०० | साठ | |
| ५. | ६० | नवद | |

**V. हीं वाक्यां चूक व सारकें तें समजून बरय.**

१. देवान आमकां अडचण्यांक सांपडांवचें बऱ्याक न्हय.

२. तोंडान वाचून शिकचे प्रास बरोवन शिकचें बरें.

३. बरोवप्याक जापी बरोवंक तीन वरां पावनातल्लीं.

४. बरोवप्याक डबल प्रोमोशन दीवंक अधिकारीन आक्षेप करुंक ना.

५. बरोवप्याक देवान दाकयिल्या उपाया वर्वीं धैर्य आनी विश्वास भोगलो.

**VI. ह्या सवालांक तीन चार वाक्यांनी जाप दी.**

१. छापलल्या पुस्तकांतलें लिसांव मतींत दवरून बरोवंक कितें करचे?

२. 'देवान दाकयिल्लो उपाय' पाठा थावन युवजणांनी शिकचें लिसांव कसलें?

३. देवान लेखकाक दाकयिल्या उपायाचो परिणाम कसलो?

**VII. तिकट्यांत दिल्ले शब्द वापरन वाक्य पूर्ती कर**

प्रतिफळ, जाप, मनांत, फायदो, आक्षेप विणें, पोशक

१. ३शब्दांतलें हर अक्षर बरयिल्ले बरीं खंचता आनी तशेंच ऊरता.

२. म्हजेच निरीक्षे भायलो जालो.

३. एक वर्तो फुडारी आनी कोंकणीचो

४. ताणें डब्बल प्रोमोशन मंजूर केलें.

**VIII. घुस्पडललें वाक्य सार्कें कर.**

१. सांपडायता देव आमका थोड्या आमच्या बरयाकच अडचण्यांनी हे

२. वगीं समजाल्लीं विसरनांत लिसांवां

३. सवलां परीक्षेचीं आतांचे बरीं छापल्लीं वांटिनासल्लीं

**IX.** जो.सा. अलवारिसाचें पूर्ती नांव जोकीम संतान अल्वारीस. अशेंच हेर कोंकणी साहितिंचीं लिकणे नांवां आसात. हांगासर थोडीं लिकणे नांवां आनी पुर्ती नांवां आसात. तीं ताळ करन बरय.

| | | |
|---|---|---|
| १. खडाप | मेल्क्योर बाल्तजार रोडीगस | |
| २. एट्टेल | जेरोम सिरील वेगस | |
| ३. चा.फ्रा | विन्सेंट जोसेफ पीटर सलडान्हा | |
| ४. लूम | अपोलिनरीस तोमस लोबो | |
| ५. जी.एम.बी. | बी.वी. बाळीगा | |
| ६. सिरिवंत | लुवीस मस्करेन्हस | |
| ७. मंगळूर मोग्रें | चार्ल्स फ्रान्सीस डिकोसता | |

पाठ – १२
पद्य

# भागी म्हजो गांव

K5K6N2



आंगणांत म्हज्या आंबे पणस
रानांत म्हज्या जांबळ बेणस
शेतांत म्हज्या भांग्रा कणस
सर्ग म्हजो गांव.

म्हज्या गांवांत कितें उणें?
सर्व देणीं मेजल्यांत कोणें?
आसा कोणयी पोटाविणें?
तुपेंच म्हजो गांव.

मनीस म्हजो चडता दोंगर
खांदार ताच्या कोयती नांगर
घामाचें वीट पिकला आंगार
कोंकणी ताचें नांव.

म्हजे नदींत उदक सदां
म्हज्या रुकार पाचवें सदां
म्हजे कोगळेक कंतार सदां
सपण म्हजो गांव.

नारलांक म्हज्या रंग भांग्राळो
मोगऱ्यांक म्हज्या स्वाद म्होंवाळो
काळजांत म्हज्या मोग हुनाळो
विसरन कशें हांव?

मांयच्या दुदान भरता आंग
गांवच्या वाऱ्यान भरता मन
तितलेंच म्हाका पुरो धन
भागी म्हजो गांव

**–जे.बी. मोरायस**

**कविची परिचय:** भागी म्हजो गांव कविता कवी जे.बी. मोरायसाच्या भितरलें तुफान कविता संग्रहांतलें काडला. ह्या कविता संग्रहाक 1985 व्या वरसाची साहित्य अकाडेमी प्रशस्ती लाबल्या. 1990 वरसा महाराष्ट्र गौरव पुरस्कार, 2000 व्या वरसा जोर्ज फेर्नांडीस एक साहसी जीण पुस्तकाक डो.टी.एम.पै प्रतिश्टान पुरस्कार, कर्नाटक कोंकणी साहित्य अकाडेमी प्रशस्ती ताका लाभल्यात. कोशॆड्डान केल्ली खून कथा संग्रह, एक देंट एक पान कविता संग्रह, नवी होकाल ताचीं इतर कृतियो. जोन ब्यापटिस्ट मोरायस 1933 इस्वेंत द.क. जिल्याच्या निड्डोडींत जल्मलो आनी आता मुंबायिंत वसती करून आसा.

आशय: कोंकण प्रदेशाची ग्रेस्तकाय ही कविता पाचारता.

## अभ्यास

## I. कठीण उत्रांचो आर्थ

कणस = कणशी

तुपें = भात व हेर पीक जमोवंक केल्ली मांडावळ

स्वाद = पर्मळ, वास;

मोग्रें = ल्हान धवें पर्मळीत फूल

पोटाविणें = भुकेन/खाण नास्तां

**II. अन्यवचन रूप बरय.**

बेणस –

पणस –

न्हंय –

कोगूळ –

नारल –

**III. रिती सुवात भर.**

१. ______ म्हज्या भांग्रा कणस.

२. घामाचें मीट ______ आंगार.

३. म्हजे ______ कंतार सदां.

४. गांवच्या ______ भरता मन.

५. काळजांत म्हज्या ______ हुनाळो.

**IV. ह्या सकयल्या सवलांक एक वाक्यान जाप बरय.**

१. ह्या कवनांत येवच्या फळ वस्तुंची वळेरी कर.

२. नांगर कित्याक उपयोग करतात?

३. कोगूळ कित्याक फामाद आसा?

४. कवितेंतल्या नारलांचो रंग कसलो?

५. शेत कशें सोभता?

**V.ह्या सवलांक दोन –तीन वाक्यांनी जाप बरय:**

१. कवी आपलो गांव सर्ग म्हण कित्याक म्हणता?

२. कवी न्हंय, रूक आनी कोगुळे विशीं कितें म्हणता?

३. कवी आपणेक कसलें धन मागता?

४. आपणाचो गांव 'तुपें' म्हण कवी कित्याक म्हणता?

**VI. दिल्ले शब्द वापरून वाक्य कर.**

१. देणीं

२. भांग्राळो

३. धन

४. स्वाद

**VII.चडतीक अभ्यास:**

१. आमच्या गांवांत जांवच्या धा फळ वस्तुंची पट्टी कर

२. कृशेक उपयोग करच्या आयदांची पट्टी कर

**VIII. कविता तोंडपाठ कर.**

म्हज्या गांवांत कितें उणें    म्हजे नदींत उदक सदां

.......................................................................

.......................................................................

.......................................................................

.......................................................................

.......................................................................

.......................................................................

तुपेंच म्हजो गांव सपण म्हजें गांव

**IX.** हे कवितेंतलो प्रास सब्द विंचून काड.

**X**. पूरक वाचप.

भितरलें तुफान कविता संग्रह वाच.

**XI** . एक स्वंत कविता बरय.

**XII** तुज्या गांवाचें पिंतूर सोडय आनी रंग घाल.

(गुडे, दोंगर, शेत, न्हंयो, रूक, झाडां, रान इत्यादी आसचे बरीं; हळ्ळेचें वातावरण येवचे बरीं.)

**XIII.** तुज्या गांवचे उदरगती खातीर तूं कितें करुक अपेक्षिता म्हळ्ळे विश्यांत ५ वाक्यां बरय.

पाठ–१३
गद्य

# परिसर रक्षण

L9X2T3



हे पृथ्वीर हर्येक अंश एकामेकाचेर अवलंबीत आसा. वारें, उदक, रूक, झाडां, मनजाती, मनीस हांचे मधें बरो संबंध आसा. समतोलन आसा. मनशाक जीव उरुंक आक्सिजन जाय. मनीस आक्सिजन सेवता, कार्बन डैआक्सैड भायर सोडता. रूक हें कार्बन डैआक्सैड सेवन खाण तयार करता आनी आक्सिजन भायर घाल्ता. मनीस हें खाण आनी वारें सेवता. पूण मनशान स्वार्थाक प्रकृतेचें समतोलन चुकयला.

**पाचव्या घराचो परिणाम:** पाचव्या घराच्या परिणामान संसाराचेर धग चडून येता. कार्बन डैआक्सैड आनी मिथेनग्यास, वातावरणांत हांतुळनार आसून, सूर्याचें वत पाटीं धरणीक प्रतिफलन करतात.

पूण आता प्रगेतेचे नांवांन रानां–झाडां नास जाल्यांत. कैगारिको, वाहनां वर्वीं कार्बन डैआक्सैड परिणाम प्रमाण चड जाला. आनी मिथेन 2025 इस्वेंत 6 वांट्यान चड जावंक साध्यता आसा. हाचो परिणाम पृथ्वीचो सरासरी ताप चडतालो. हो ताप 1.5 तितलो चडल्यार गिमांत उदकाचो तत्वार, पावसांत उवर, बेळे उणें जांवचें असलीं अनाहुतां घडतलीं. 2.5 चडल्यार अटलांटिकाचें ऐस कर्गोन, दर्याच्या उदक बरोबर 7 मी म्हणासर चडतलें. तवळ 15 ठक्के संसाराचो जागो सगळो (करावळी प्रदेश) उदका भितर वतलो.

**मळबाक बुराक:** भुमिच्या वातावरणांत आसचें ओजोन हांतुळन, सूर्य थावन येवच्या मारेकार आल्ट्रावायलेट किर्णां धरणीक पडनाशें आडायता. ह्या पदरा थावन मारेकार क्यान्सर आनी इतर पिडा येवची साध्यता आसा. अमेरिका, युरोप राष्ट्रांनी असल्या ग्यासाचें उत्पादन उणें केलां तरयी, भारत तसल्या राष्ट्रांनी सहकार दिल्यार 2030 इस्वेंत

1979 इस्वेच्या हंताक पावूंक साध्य आसा. ना तर लोक मारेकार पिडेक बली जातलो.

**ऑसीड पावसः** आता आमच्या गांवांत पावस पडता. पूण धरणीक पावताना नितळ उदका बदलाक 'विकाळ' ऑसीड जावन पडता. कैगारिके थावन, वाहनां थावन, उत्पन्न जांवचे नैट्रीक आक्सैड, वारें,उदक, उदकांत करगताना आसीड जाता. हें आसीड दर्यांत आसल्लीं लवणां करगून, नास करता. हाचो परिणाम रूक झाडांचेर, कृषिचेर पडता. हाचे वर्वीं मासळेक उदकांत सोडूंक जायना. परिणाम मासळ्यो मरतात.

**आमच्या परिसरांत वातावरण मालिन्यः** शहराच्या परिसरांत आता आसचें विकाळ वारें म्हळ्यार वाहनां थावन येवचे कार्बन मोनोक्सैड, कार्बन डैआक्सैड, सल्फर डैआक्सैड, लेड डैआक्सैड, हाचो परिणाम काळजाची, पोप्साची पिडा इत्यादी तेणें हेणें म्हेळें, कूसल्या वर्वीं, म्हेळ्या उदका वर्वीं, मिथेन इत्यादी ग्यास उत्पत्ती जातात. आमच्या घराच्या भोंवतणीं रास पडचें म्हेळें भलायकेचे दिश्टीन मारेकार.

वातावरणाक मार दिंवची अन्येक वस्तू म्हळ्यार प्लास्टीक. सगळ्यांनयी प्लास्टीकच. हें कुसना. हुल्पयल्ले वर्वीं उबजोंवचें विकाळ वारें भलायकेक तशें वातावरणाक पाड. हें प्लास्टीक परत उपयोग करुंक वा इतर केमिकल जावन परिवर्तन करुंक संसोद चलून आसा.

**आवाजाचें मालिन्य :** वाहनांचो आवाज, लौड स्पीकरां, गर्नाळी, फुगेट्यांचो आवाज, आमी आयकुंची सकत उणे करता, मानसीक दोशी हाडता.

**दारू लासची आनी फुगेट्यो** थोड्या वरसा आदीं व्हडल्या फेस्ताच्या आदल्या दिसा वा दीपावळी वेळार दारू लासताले. पूण आतां हें सगळ्या वरसा चलता. हाचो परिणामच शब्द मालिन्य आनी वातावरण मालिन्य.

आमी कितें करयेत? :

१. रूक, झाडां लांवचीं: रूक विकाळ वारें सेवन बरें वारें भायर सोडता.

२. प्लास्टीक उपयोग उणे करचो.

३. वस्तु हुल्पांवचें रावोंवचें

४. गर्जेक मात्र वाहनांचो उपयोग करचो. सार्वजनीक वाहनां वापरचीं.

५. घरांनी-कार्यांनी श्शब्दाचो आवाच उणे करचो. प्रकृतेचें रक्षण करयां, ती मुकाले पिळगेक उरोव्यां.

**– पाठ पुसतक समिती**

**आशयः** परिसर कित्याक आनी कशें रक्षण करयेत म्हण ह्या गद्यांत सांगला.

अभ्यास

**I. उत्रांचो अर्थ.**

| | | |
|---|---|---|
| होंड्रोन | = | |
| समतोलन | = | |
| परिणाम | = | |
| मारेकार पिडा | = | |
| मालिन्य | = | |
| दारू | = | |

**II. विरोद श्शब्द बरय.**

| | | |
|---|---|---|
| १. समतोलन | x | |
| २. स्वार्थ | x | |
| ३. चडता | x | |
| ४. उणे | x | |
| ५. भायर | x | |

**III. एकामेका मेळय.**

| | | |
|---|---|---|
| १. पाचव्या घराणेंचो परिणाम | कैगारिके थावन येवचें नैट्रीक ऑक्सैड | |
| २. ओजोन हांतुळन | शब्द मालिन्य | |
| ३. ऑसीड पावस | धग चडता | |
| ४. दारू लासची | गर्जेक मात्र | |
| ५. वाहनांचो उपयोग करचो | सूर्याचें मारेकार | |
| | किरणां लिपयता | |

**IV. रिती सुवात भर.**

१. पृथ्विचेर हर्येक अंश एकामेकाचेर ______ आसा.

२. मनशान स्वार्थान ______ चुकयला

३. भूमिच्या वातावरणांत ______ आसा

४.पावस धरणीक पावताना नितळ उदका बदलाक ______ आसीड जावन पडता

५. वातावरणाक मार दिंवची आन्येक वस्तू म्हळ्यार ______

**V. एकाच वाक्यान जाप दी.**

१. मनीस जीव उरुंक कितें जाय ?

______

२. मनशाच्या स्वार्थान प्रकृतेंत कितें जाला?

______

३. 'ओजोन' हांतुळन कित्याक गर्जेचें?

______

४.चड आवाज आसल्यार कितें जाता?

______

**VI.** सकयल्या सवालांक दोन वा तीन वाक्यांनी जाप बरय.

१. पाचव्या घराचो परिणाम कसलो?

२. 'मळबाक बुराक' हे निमतीं घडचीं अनाहुतां खंयचीं?

३. ऑसीड पावस पडल्यार कसलीं अनाहुतां घडतात?

४.दारू आनी फुगेट्यो लासल्यार कसलो परिणाम पळोवेत?

५. परिसर रक्षण करुंक आमी कितें करयेत?

**VII. सार्कें वा चूक बरय. चूक जाल्यार सार्कें कर.**

१. प्लास्टीक कुसून वचना

२. कुसून वच्यो वस्तू सारें जावन उपयोग करयेत.

३. रूक आमका बरें वारें दिता.

४.वस्तू हुल्पायल्यार बरें.

५. रूक झाडां नास केल्यार पृथ्वेचो ताप चडना.

**VIII. सकयले शब्द उपयोग करन वाक्य बरय.**

१. मारेकार

२. प्लास्टीक

३. आवाज

४.सारें

**IX. वनमहोत्सवा विशीं प्रबंध बरय.**

**X. घुस्पडललें वाक्य सार्कें कर.**

१. ताप परिणाम हाचो चडतलो प्रथ्वीचें

२. मारेकार लोक बली जातलो पिडेक

३. उपयोग प्लास्टीक करचो उणे.

४. पावस पडता गांवात आमच्या आता

५. नास रानां झाडां नांवीं जाल्यांत प्रगतेचे

**XI.** प्लास्टीक निशेदा विशीं क्रम घेवंक स्थळीय आडळत्याक विनंती करून एक मनवी बरय.

**XII.** तुज्या घरा भोंवतीं परिसर नितळाय कशें करयेता म्हळ्ळे विशीं धा वाक्य बरय.

# आमी कोंकणी

पाठ – १४
पद्य



आमी कोंकणे भारत वासी आमगेली कोंकणी माता
मातृवाणी ही शाश्वत राबचें भाग्य दी तूं विधात

भारत जननी गळ्याक लाबता भासे मणियाळा माळा
कोंकणी समेत विवीध भारती भारता विशाल शाळा

सत्य अहिंसा सौहर्दाचे प्रेमी लोक आमी
एक कोंकणी भाशे नांवान एक आमी तुमी

आवसू जन्मभूमी आनी भासे आदरू दित्ताती
धर्म आमगेलो राकचे खातीर पापाक भित्ताती

साध्य करी तू भाग्यविधाता आमगेली ही अभिलाशा
एक मेळिची गांटी घालो हे आमगेली कोंकणी भाषा

–कोच्ची अनंत भट

आशयः कोंकणी लोकाचो सौहर्द शेंगूण ही कविता विवरिता.

## अभ्यास

### I. उत्रांचो अर्थ.

मातृ=आवय 　　　　 वाणी=उत्रां

विधात=देव, भगवंत 　　　　 लोक=जन

एक मोळी=एकवटी 　　　　 अभिलाशा=आशा, अत्रेग

### II. विरोध अर्थाचे सब्द बरय.

१. अहिंसा x ______ 　　 २. सत्य x ______

३. शाश्वत x ______ 　　 ४. विशाल x ______

५. राक x ______

### III. रिती सुवात भर.

१. भारत जननी ______ लांबता भास ______ माळा

२. धर्म आमगेले ______ पापाक भित्ताले

३. ______ ही शाश्वत रावचे भाग्य दी तूं विधाता

४. हे कविताचो कवी ______

### IV. तिकट्यांत दिल्ले शब्द विंचून रिती सुवात भर.

१. आमगेली ______ माता.

(१. कन्नड, २. कोंकणी, ३. तुळू, ४. ब्यारी)

२. कोंकणी भाशे नांवान आमी ______

(१. एक, २. दोन, ३. तीन ४. चार)

३. ______ अहिंसा सौहार्द प्रेमी

(१. भक्ती, २. सत्य, ३. शांती ४. प्रीती)

### V. दोन वा तीन वाक्यांनी जवाब बरय.

१. कवी देवा कडे कितें मागता?

२. भारत मातेची सोभाय कवीन कशी वर्णन केल्या?

३. आमी खंयच्याक आधार दितांव? खंयच्याक भियेतांव?

४. ह्या कवनांत कविची अभिलाशा कसली?

**VI.** पद पुर्ते करा.

अ) सत्य अहिंसा..................................

..........................................................

..........................................................

......................................आमी तुमी

आ) साध्य करी........................................

..........................................................

..........................................................

..............................कोंकणी भाशा

**VII.** हे कवितेंत आसच्या प्रास शब्दांची जोडी विंचून बरय.

**VIII.** हे कवितेचो संदेश ५ वा ६ वाक्यांनी बरय.

**IX.** देशभक्ती विशयांत ल्हान कवन बरय.

**X.** कोंकणी भाषेचे ग्रेस्तकाय विशीं एक प्रबंध बरय.

**XI.** चडीत वाचपः 'सुवर्ण कर्नाटकांत कोंकणी मनीस' कोंकणी साहित्य अकाडेमी

**XII.** आमी कोंकणी – विवीध कोंकणी समुदायांची वळेरी कर.

पाठ – १५
पद्य

# मेडं मेरी क्यूरी

B6J8U9



मेडं मेरी क्यूरी शोषीत लोकाक, दुबळ्यांक, स्त्रीयांक एक भखसाचें कीरण. दुबळ्या कुटमांत, विदेशी राष्ट्राचें आडळतें आसून चलियांक उंचलें शिकप साद्य नातलल्या पोलेंड देशांत ती जल्मली तरयी, संसाराच्या इतिहासांत सबार संगतिनी ती फामाद जावन आसा. विज्ञानांत डॉक्टरेट शिकप जोडल्ली युरोपाची पयली स्त्री ती. विज्ञानांत नोबेल प्रशस्ती जोडल्ली पयली स्त्रीय तीच. विज्ञानाच्या विशयांत दोन नोबेल प्रशस्ती मेळळली एक मात्र व्यक्ती ती. आपल्या पतीक आनी धुवेकयी नोबेल प्रशस्ती लाबूंक ती कारण जाल्या. समर्पण, खरो उद्देश आनी प्रयत्न आसल्यार कसल्यो अडकळी आयल्यारयी तांचेर जयत व्हरयेत म्हण मेरी क्यूरीन दाकयला.

मेरिचो जल्म 1867 इस्वेंत नवेंबराच्या 7 तारिकेर, पोलेंडाच्या, वार्सोंत जाल्लें. तवळ तो प्रदेश, रष्याच्या झार रायाच्या हाता खाल आसललो. तिचो बापय इस्कोलांत शिक्षक. पूण ताका आपल्या मायगांव पोलेंडाचेर अभिमान आसल्लो म्हण कळीत जाल्या सर्कारी अधिकारिंनी ताका कामांतलो काडलो. मेरी शिकपांत हुशार. हायर सेकंडरी परिक्षेंत पयलें स्थान तिका लाबल्लें. पूण चलियांक तवळ त्या गांवांत उंचल्या शिकपाक अवकास नातल्लो. मेरी आनी तिची व्हड भयण उंचलें शिकप जोडूंक एक योजन घालतात. पयलें व्हड भयणीन प्यारिसाच्या सोरबान युनिवर्सिटिंत शिकूंक वचें, आनी ताच्या शिकपाक मेरीन काम करन आदार दिंवचो. उपरांत व्हडले भयणीन मेरीक शिकपाक आर्थीक मजत दिंवची. ह्या योजना प्रकार मेरी, गवरनेस काम करन आपले बायेक शिकपाक आधार दिता. उपरांत बाय ब्रोन्या आपल्या धाकटया भयणीक मेरीक प्यारिसाच्या सोरबान विश्वविद्यानिलयांत शिकूंक आधार दिता.

पर्देशांत, पर्देशी भाशेंत कश्टान शिकोन, विज्ञानांत स्नातकोत्तर शिकप, पयल्या स्थाना संवें जोडता. शिकपा उपरांत, प्यारिसांत पियरी क्यूरिच्या प्रयोगालायांत सहायक जावन नवकरेक लागता. पियरी क्यूरी भौत शास्त्रांत म्याग्नेट आनी स्पटिंकां(Crystal) विशीं संसोद करन आसल्लो. 1895 इस्वेंत तांका लग्न जालें. अशें विज्ञानांत क्यूरी जोडें उदेली.

1903 इस्वेंत अणू विकिरण विशयांत मेरीक डॉक्टरेट मेळता. ती विज्ञानांत डॉक्टरेट मेळल्ली पयली स्त्री.

1898 इस्वेंत मेरी आनी पियारी युरेनियं परींच अणुविकिरण गूण आसचें दातू संसोद करुन ताका आपल्या मांयदेशाचें अभिमान दाकोंवक 'पोलेनियं' म्हण वोलायता. तशेंत 'रेडियां' तीणे संसोद केलें. रेडियं क्यान्सर पिडा गूण करुंक उपयोग करतात. रेडियं थावन भायर येंवचीं आणुविकिरण किरणा क्यान्सर कोशांक लगाड काडतात. रेडियं संसोद केल्याक, पेंटेंट आपणावन, दाराळ ग्रेस्तकाय आपणायनासी क्यान्सर पिडेसतांक वकत दिंवच्याक, फुंक्याक सलहा दिता. कोणाक मन आसा तांका, रेडियं उपयोग करन संसोद करुंक प्रोत्साव दिलो. मुकार तिची धूव जावंय, ऐरीन आनी जोलियट हानी कृतक आणुविकिरण संसोद केलो. 1903 इस्वेंत क्यूरी जोड्याक ताणीं सोदून काडलल्या 'अणुविकिरण' संसोदा खातीर भौतश्शास्त्रांत नोबेल प्रशस्ती लाबली.

1910 इस्वेंत रेडियं संसोद केल्याक मेरी क्यूरीक, रसायन शास्त्रांत नोबेल प्रशस्ती लाबली. नोबेल प्रशस्तेच्या इतिहासांत, विज्ञानांत, दोन नोबेल प्रशसत्यो लाबल्ली एक मात्र व्यक्ती ती जावन आसा. 1933 इस्वेंत धूव– जाव्यांक कृतक आणुविकिरणता संसोद केल्याक नोबेल प्रशस्ती लाबली.

तीणे तिची निमाणी जिणी, पयल्या महा झूजांत घायेल्या लोकाक चिकित्सा दीवंक खर्चिता. तिका लाबल्ले ख्यातीन तिका भृश्ट करुंक ना म्हण नांवाडदीक विज्ञानी अल्बर्ट ऐनस्टीन सांगता.

अणुविकिरणचें चड संपर्क आसल्यान ल्युकिमिया म्हळ्ळे रगताचे क्यान्सर जावून 1932 इसवेंत ती अंतरली.

**–दीपा पिंटो, कल्याणपूर**

**परिचय:** लेखकी इंजिनियरिंग पदवीदर आसून, कोंकणी पत्रांनी बरयता. राकणो, दिवो, आमचो संदेश पत्रांनी तिचीं लेखनां प्रगट जाल्यांत.

**आशय:** अबल स्त्री जावुन स्त्री – विरोधी परिगतेंत जियेल्यार, हठ आनी प्रयत्न केल्यार जयत जोड्येता म्हळ्याक मेडं मेरी क्यूरी प्रेरण जाता.

## अभ्यास

**I. उत्रांचो अर्थ.**

समर्पण = अर्पण, ओपून दिवप;

गवरनेस = ल्हान भुर्ग्यांक पळेंवची

भौत शास्त्र = वस्तूं विशीं शिकचो विज्ञानाचो विभाग;

अणुकिरण = धातू थावन येंवचीं किर्णां;

संसोद = नवें सोदून काडचें;

धातू = मूळ वसत;

पेंटेंट = केल्या संसोदाचेर हक्क;

बीजकेंद्र = धातुचें केंद्र

**II. एकामेका मेळय.**

| | | |
|---|---|---|
| १. हेनरी बेक्वेरल | अणू विकिरण संसोद | |
| २. मेरी क्यूरी | क्यान्सर पिडेक वकत | |
| ३. ऐरीन क्यूरी | कृतक अणुविकरण | |
| ४. रेडियं | युरेनियं धातू अणुविकिरण | |
| ५. १९०३ | पोलोनियं संसोद | |

**III. तिकट्यॆ भितरले शब्द वापरन वाक्य कर.**

(तूं, तुजें, तुका, तुवें, तुमी)

१. ______ जेवणाक येया.

२. ______ बरो भुर्गो

३. ______ इनाम लाबुंदी

४. ______ सत सांगचे.

५. ______ हें चील.

**IV. एक शब्द वा वाक्यान जाप बरय.**

१. मेरी क्यूरी खंयच्या देशांत जल्मली?

२. विज्ञानांत दोन नोबेल पशस्ती जोडल्ली व्यक्ती कोण?

३. खंयच्या संसोदा खातीर ऐरीन क्यूरीक नोबेल प्रशस्ती लाबल्या?

४. रेडियं खंयचे पिडेचे चिकित्सेक उपयोग करतात?

५. पोलेनियं कोणें संसोद केल्लें?

६. मेरी क्यूरिच्या जीवना थावन आमका मेळचीं दोन मौल्यां बरय.

## V. चार वा पांच वाक्यांनी जाप बरयः

१. मेरी क्यूरिच्या बाळपणा विशीं बरय?

२. मेरी क्यूरिच्या संसोद वावराची माहेत दी

३. मेरी क्यूरीक लाबलल्या प्रशस्तीयांचो विवर दी

४. मेरिक्यूरीक मांय देशा थंय आसल्या अभिमाना विशीं बरय.

## VI. रिती सुवात भर.

१. विज्ञानांत ______ शिकप जोडल्ली युरोपाची पयली स्त्री ती.

२. मेरीन ह्याच विशयाचेर चडीत ______ सुरू केलो.

३. नोबेल प्रशस्तेच्या इतिहासांत ______ त दोन प्रशस्तियो लाबल्ली एक मात्र व्यक्ती.

४. विज्ञानांत डॉक्टरेट मेळल्ली पयली ______ जावनासा.

५. पियरी क्यूरी ______ सहायक जावन नवकरेक लागता.

## VII. हे शब्द वापरन वाक्य रच.

१. समर्पण

२. मोलाधीक

३. सलहा

४. संसोद

५. किरण

**VIII. हीं कन्नड वाक्यां कोंकणीक भाशांतर कर.**

१. ಮೇಡಂ ಕ್ಯೂರಿಯವರು ರೇಡಿಯಂ ಮೂಲವಸ್ತುವನ್ನು ಸಂಶೋಧಿಸಿದರು.

२. ರೇಡಿಯಂ ಮೂಲಸ್ತುವಿನಿಂದ ಬರುವ ಅಣುವಿಕಿರಣಗಳ ಕ್ಯಾನ್ಸರ್ ಕೋಶಗಳನ್ನು ನಾಶಗೊಳಿಸುತ್ತದೆ.

**IX. हें इंग्लीश वाक्य कोंकणीक भाषांतर कर.**

१. Madam Mary Curiewas a patriotic woman.

२. She gives free advice to cancer patients.

**X. वावर : विश्वभांदत्व विशीं उल्लेक करन तुज्या मित्राक एक पत्र बरय**

**XI. पळे, वाच, समज आनी बरय.**

१. ह्या शाळेचो शिक्षक मास्तर: पुल्लिंग / स्त्रीलिंग ☐

२. तो आमचो बापा : पुल्लिंग / स्त्रीलिंग ☐

३. तें गाडव सोबीत आसा: पुल्लिंग /नपुसंकलिंग ☐

४. आमची होनी आयली: नपुसंक लिंग / स्त्रीलिंग ☐

५. शाळेंतली मुकेल मेस्त्रीण : पुल्लिंग / स्त्रीलिंग ☐

**XII. नियोजीत वावर:**

नोबेल बहुमान लाबल्या पांच विज्ञानीं विशीं विवर जमोवन बरय.

## XIII. वैज्ञानीक मनोभाव:

मेरी क्यूरी बरीं सबार विज्ञानी आमका वैज्ञानीक मनोभाव रूपीत करुंक उत्तेजन दितात. नवे दिश्टीन पळोवन, कसल्योच संगती, आधार नासता पात्येंवच्या बदलाक, परामश करन, ताचे उपरांत मात्र पात्येंवची सवय करुंक जाय. खंयच्याय सत या घटना विशीं चडीत सवालां विचारन, जोक्ती जवाब मेळ्या उपरांत मात्र उगत्यान उलोंवची सवय आमी वाडयजे. कण्णारे कंडरू, परांबरिसी नोडू (उगत्यान दिसलें तरयी, विचार करन समजूंक जाय) म्हळ्या कन्नड उत्रांचो सदांच उगडास दवरा.

पाठ-१६
पद्य

# आवय भारत



आवय भारत आमका सकडांक जिवा परस व्हड;
जिवा परस व्हड, आमच्या प्राणा परस व्हड!

जन्म भुंयच्या मानाकामी नित्य सत्य वावूरतांव
तिच्या मानाक प्राणाक आमची जिणियी दितांव

दर्योच आसा तिचें न्हेसण, मात्यार माळ्ळा हिमा झेलो
बरयोच न्हंयो, उबार दोंगर,
शृंगार हेरांक विस्मीत केल्लो सृश्टी शोभेचें दिर्वेंच जाल्लो!

वीरांची माता तूंच आमका थीर पदवी दिताय
धर्म-कर्म, तत्व-ज्ञान सकत उबजयिल्ली भूंय
पृथ्वीक वर्ते मुकूट सोबाय!

दास्याचो भोरो थांबोवन उडोवन देश जाला उज्वळ
राज्वट आयलें जना हातांत सर्व सुखयी पुश्कळ
वेळ घडी आता भांगार नितळ!

वेगळे वेगळे भिन्नभाव आमी अग्दी विसरुंया
एकच मांयचीं भुर्गीं आमी वेगळेपण सोडुया;
एकवटान मुखार मुखार सरुंया.

मातृसेवा तत्पर आमी रुणां सर्व फारीक करुंया
बावट्या होडवी वाडोवन आमी शांतिचो उलो मारुंया
जगाचे हिताक घोळुंया

जनांची शांती, जगाची शांती, एकेच वाटेन घडसुंया
स्तोत्र, रीत, फौज, आमची आसा सोसणीक सवकासाय
समेस्त शांतीक स्थापुंया

**–श्री दामोदर बाळीग**

**परिचय:** श्री दामोदर बाळीगा हांच्या शांती साधन पुस्तका थावन ही कविता घेतल्या
**आशय:** भारत देशाची प्रकृतीक ग्रेस्तकाय कवीन वर्णन केल्या.

## अभ्यास

**I. कठीण उत्रांचो अर्थ.**

आवय=आवसू, अम्मा;
दर्यो=समुद्र;
दिर्वें=भंडार;
फारीक= दिंवचें ;
जीणयी=जीवन;
दोंगर=उबार गुड्या सुवात;
थीर = दृड, बळादीक

**II. विरोध अर्थाचे सब्द बरय.**

१. व्हड x

२. सत x

३. बरें x

४. सूख x

५. नितळ x

**III. कविते प्रकार एकामेका मेळय.**

| | | |
|---|---|---|
| १. दर्यो | दोंगोंर | |
| २. उबार | विसरुंया | |
| ३. भिन्न भाव | तिचें न्हेसण | |
| ४. एकवट | मुकार सरुंया | |

**IV. रिती सुवात भर.**

१. ______ आमका सकडांक जिवा परस व्हड

२. दर्योच आसा तिचें ______

३. वेगळे वेगळे आमी अग्दी विसरुंया ______

४. हे कवितेचो कवी ______

**V. दोन वा तीन वाक्यांनी जवाब बरय.**

१. पृथ्वीक वर्ते मुकूट सोबाय कोण? कशें?

२. भारत माता खातीर आमचो वावर कसो आसूंक जाय?

३. विश्व शांतीचें स्थापन आमी कशें करयेत?

**VI.** हे कवितेंत आसचे प्रास सब्दांचे ४ जोडी विंचून बरय.

**VII.** कवी प्रकार भारत मातेच्या न्हेसण आनी श्टंगारा विशीं बरय.

**VIII.** भारताच्या बावट्याचें चित्रण सोडोवन रंगांचीं नांवां बरय.

**IX.** भारताच्या प्रमूख न्हंयांची आनी दोंग्रांची वळेरी कर.

**X.** भारतांत अन्य प्रमूख धर्मांची वळेरी कर.

**XI.** भारताच्या संविधानान मान्यता दिल्या भासांची वळेरी कर.3

# पाठ–१७ गद्य तुळवे मातियेची धूव – अब्बक्का देवी

M8D9I5

अब्बक्का: सोमनाथ, तुळवेच्या भर्माच्या देवा, तुळवेची मान, मर्याद, कीर्त तुज्या पांया थळा शिरकून माती जांवची कालेत निर्मून येता. तुवें पाय रोंबयल्ले हे मातियेंत फुडतुगेजांनी करचो अन्याय, आधारचीं अकर्मिपणां ह्या तुळू गांवाक मात्र न्हय सगळ्या देशाकच शिरापाचीं जाल्यांत. लोका दोळ्यांक फातर जावन रावल्ल्या सोमनाथ, तुज्या अंतस्कर्नाची दूक हांव जाणा बापा! आमच्या तरन्या जनांगाक उमेदीन भर! फुडतुगेज राक्षसांक मारून धांवडाय! तुळवेचें इतिहास गुलामपणाच्या सांकळिंनी गांटायनासता, सोन्यापानांनी नेटय.



बागी : कितें सर्दारा? ह्या देवळांत... तो मुसल्मान...?

अब्बक्का : ताका मुसुल्मान म्हण आमी आपोव्येता! पूण तो हिंद्वाच्या गांवांत जल्मून आमचो भांवडो जाला! तो एक नीज मनीस. समस्त–जाती तोडून सकडयी एकच म्हणच्या ताका 'अल्लाह' आनी 'सोमनाथ' वेगळो न्हय. आमी मात्र जात–समडत नीत म्हळ्या नव्याच आशेंक रेंवोड घालन अबलासेपणांनी हो गांव पर्देश्यांक विकून आसात.

नार्णप्पय्य : म्हा राणिये! तुमचो भाचो युवराज कामरायाक आनी फुडतुगेजांचो अधिकारी अंतोन ब्रगांजाक गुपीत इश्टागत आसा खंय. ताका चलियांच्या पिसाये संगीं मातिये आशायी बळ जाल्या. बंगर रायाकयी, तुमकांय मंगळुरा थावन धांवडांवच्याक प्रयत्न करून आसा खंय. त्या खातीर हें पत्र तुमका धाडला.

अब्बक्का : हो तुळव गांव आमचो गांव. ह्या गांवाक हांव केदींच पुडतुगेजांक भितर घालूंक सोडचिनां. आमचींच आमका पोटलून धरून फाटल्यान थावन सुरी घालूंक प्रयत्न करतल्यांक सोमनाथ केदाळा तरयी नास करतलो. ह्या देशा थावन

पुडतुगेजांक भायर घालचोच म्हजो ध्येय. हे खातीर म्हजो प्राण त्याग करुंकयी तयार आसा.

इबरायीं: वचून यो, माये, वचून परत्या यो, ह्या तुळव गांवाचे मान आनी मर्याद तुज्ये मुटींत दवरून राक. सोमनाथ तुका राकुंदी. (इबरायीं निर्गमन)

संकप्पय्य: 1526 इस्वेंत तुमच्या बंगर रायांक आनी फुडुगेजां मधें जाल्या सोल्या पर्माणें 2400 मुडे तांदूळ आनी 1000 मांडे नारलेल तेल धाडूनच आसल्यात. आयलेवार थावन हें शर्त तुमी पाळिनांत. देकून उज्वाडचे आदीं तुमी ह्यो वस्तू धाडून दीजे, चुकल्यार मंगळूर उज्या दावलेक बली जातलें.

लक्ष्मप्प : ह्या गांवच्या पर्जांनो... व्यापाराच्या निबान हांगा आयिल्या फुडतुगेजांनी दगलबाज करून आमका सलवोवन आमचे लागीं तांदूळ, तेल विचारतात तर, आमची मान, मर्याद खंय उरली? दीनातल्यार हुल्पावन सोडतांव म्हळ्या उन्नाक भियेल्यांव तर, फाल्यां हो गांवच विचारतले. देकून तुळू गांवच्या भुरग्यानो हो गांव तुमचो. हांगा जांवचो नश्ट तुमचो नश्ट. ह्या पत्राक बिंयेवन आमी तिर्वो दिंवचोच न्हय.

चंद्रप्प: ही उळ्ळाल्ची बायल घोवाक सोडून, वागिणे बरीं फिंगर्यां लागीं झुजाक हटाक पडल्या तें दादलेपणाकच मर्यादी सवाल.

बागी : दादल्यांक मर्याद आसा म्हळ्ळो भखसो बायलांनी दिवचे जाला. भेरयां बरीं, गांवांत थावन गांवाक चाडियो सांगून भोंवतल्या तुमचें मनशापणच नास जाल्या उपरांत मर्याद खंय उरली?

नार्णप्पय्य:आमका तुमी बूद शिकोंवची? आमच्या उरट्याचो खोलो राकल्या तुमी? चिके पूणयी तुमका समजणी आसावे? खंय थावन धांवून येवन दूसर्यांच्या आंगणांत पाकें उबारून थीरल्ले तुमी, आंगणा धन्या लागींच बाडें विचारतात न्हय. थू... तुमच्या व्यवहाराक.

तिम्मण्ण: म्हा राणिये, पन्नास हो ंनी मोग्रांभाव, मुस्लिम भांवडे फुडतुगेजांक बूद शिकोंवच्या खातीर चुडी घेवन भायर सरल्यात... रगत व्हारोवन तरयी मान उरया (भावां-भयणिंनो हें जिवीत कोणाकयी थीर न्हय. चार दिसांचें हँगा जिवीत नाका.)

अब्बक्का : मोग्रां भावांनो, मुसलीम भावांनो तुळवेच्या पुत्रांनो, हांव स्वार्थी न्हय, म्हाका कांय नाका ह्या तुळवेच्या गांवाचो मान आनी मार्याद उरोवंक हांव मरण पावूंक तयार आसा. तुमचे लागीं भीक मागून आसा आमी सकडांय एक जावन रावया, ना तर एक जावन मरया, जै सोमनाथ.

नार्णापय्य: म्हा राणिये, वैसरायी आनी फुडतुगेज सैनीक हांगासर येवन आसात पाटीं वचुंया.

अब्बक्का: हांव पाटीं वचुंक येवंक नां. हांव स्त्री आसन. हांवें झजनासता रांवचे न्हय.

कामराय: व्हय. तिका हांवच कुडावन दितलों. तुमीच गोंयां शेराक वोडन व्हरा. हांगा आसल्यार हांगाचो लोक उचांबळ जावन परयान गलाटो चलयत्तले. खंय अब्बक्का राणी ?...

तिम्मण्ण : कामाराय अधिकाराचे आशेन, फुडतुगेजांच्या शिंतऱ्यांक सांपडून हांगाच्या मातभारयांक दुडवा आशा दाकोवन तुवें दगलबजे वाट धरनातल्ली तर, ही गत येतवे?

नार्णप्पय्य: अब्बक्क राणी एदोळच सरल्या. पूण ह्या पातक्यांक न्हय, तुळवे मातियेक, सोमनाथाच्या चरणांक.

तिम्मण्ण: कामराय, खंय वता? बगलेनच तलवार घेवन कोयती सोधता... पिश्या...

तुळवेचो: सोमानाथाचो शिराप तुजेर भेजतलो. हे तुळवे मातियेंत तूं खंडीत सुखान जिये सोडना...! जै सोमनाथा: जै अब्बक्का राणी.

**कन्नड : यम के. सीताराम कुलाल**
**कोंकणीक संक्षिप्त भाशांतरः वित्ती बेंगळूर**

**मूळबरवप्याची परिचय**: यम.के. सीताराम कुलाल एक तूळू नाटकिस्त. हाणें सबार नाटकां बरयल्यांत. तुळू अकाडेमिचो आदलो अध्यक्ष, इस्कोलांनी तुळू हाडोंवच्या खातीर जायतो वावर ताणें केला.

**भाशांतर करता**: वित्ती बेंगळूर विक्टर डी'सिल्वा कोंकणिंतलो एक चींतपी आनी बरोवपी. सबार लेखनां ताणें कोंकणीक भाशांतर केल्यांत. 'चिरस्मरणे', 'साळविलो उगडास' जावन ताणें कोंकणीक भाषांतर केला.

**आशय**: विदेशी राज्वटकी विरोध झूज मांडल्ली धैर्यदीक स्त्री उळ्ळाळची राणी अब्बक्का. आपल्या गांवा खातीर एक स्त्री जाल्यारयी धैर्यान झूज मांडून आपलो जीव तिणें दिला. देशाभिमान ह्या गद्य भागांत आमका उटून दिसता. देशा खातीर थोडो पूणयी त्याग करचे म्हळ्ळी जागवणी ह्या पाठा थावन आमका मेळता.

## अभ्यास

**I. कठीण उत्रांचो अर्थ.**

भांवडो – भाव; रेंवड–भोंवाडो घाल, सुत्तूर घाल ; अबलास–अंगलाप ; शरत– दिशा, निर्बंध,; उज्यादाव – उज्या हुन्साण, धग, भेजतलो–पडतलो, देंवतलो; दगलबाज–फसोवणी, नागोवणी; अंतस्कर्न कोशेडद

**II. विरोध अर्थाचे सब्द बरय.**

| | | | | | |
|---|---|---|---|---|---|
| तर्नो | x | | पर्देशी | x | |
| अन्याय | x | | शिराप | x | |
| नश्ट | x | | गुलामपण | x | |

**III. जोक्त्या सब्दान वाक्य पुर्तें करा.**

1. आमच्या तरन्या जनांगाक [ ] भर
2. ह्या गांवाक हांव केदींच [ ] क भितर घालूंक सोडचिना.
3. चिके पूणयी तुमका [ ] आसावे?
4. हांव पाटीं वचूंक [ ]
5. सोमानाथाचो शिराप [ ]

**IV. अन्यलिंग बरय.**

1. राणी – [ ]
2. स्त्री – [ ]
3. भाव – [ ]
4. देव – [ ]
5. भाचो – [ ]

**V. हे शब्द वापरन वाक्यांनी बरय.**

1. फातर जावन रांवचे

[ ]

2. इश्टागत

[ ]

3. उज्या दावलेक

4. मनशापण

5. दुडवा आशा

## VI. एका वाक्यान जाप बरय.

1.तुळवेच्या भर्माचो देव कोण?

2. हिंद्वांच्या गांवांत जल्मून भांवडो जाल्लो कोण?

3. तुळवगांवाक केदींच पुडतुगेजांक भितर घालूंक सोडचिना म्हळ्ळें कोणें?

4. फुडतुगेजांक बूद शिकोंवचे खातीर कोण चूडी घेवन भायर सरल्यात?

5. कोणा मधें गुपीत इश्टागत आसा म्हण नार्णप्पय्य सांगता?

## VII. ही उत्रां कोणें कोणाक सांगलीं.

1. तुज्या अंतस्कर्नाची दूक हांव जाणा बापा

2. वचून यो माये, वचून परतून यो, ह्या तुळवा गांवाची मान आनी मर्याद तुजे मुटींत दवरून राक, सोमनाथ तुका राकुंदी.

3. हांव पाटीं वचूंक येवंक ना.

4. तिका हांवच कुडावन दितलों.

5. दादल्यापणाकच मर्यादी सवाल?

**VIII. दोन वा तीन वाक्यांनी जवाब बरया.**

1. अब्बक्का देवीन सोमनाथा लागीं कितें विचारलें ?
2. व्यापाराच्या निबान हांगा आयिल्या फुडतुगेजांनी कितें केलें?
3. अब्बक्का राणियेचें धैर्य ह्या विशयांत धा वाक्य बरय
4. ह्या नाटकांत येंवची दोन मौल्यां बरय

**IX. पंगड वावर.**

1. हें नाटक नटन करून दाकया.
2. अब्बक्काक राणिये विशयांत चडीत समजूंक प्रयत्न कर.

**X. घुस्पडल्लीं वाक्यां सार्कीं करन बरय.**

1. आमची ऊरली खंय मर्याद मान

2. गांव तुळव आमचो हो गांव

3. हिंद्वांच्या तो जल्मून जाला बावडो गांवांत आमचो

4. गलाटो आसल्यार लोक हांगाचो जावन उचांबळ पर्त्यान हांगा चलयताले.

5. शिराप भेजतलो तुजेर सोमनाथाचो.

पाठ - १८
पद्य

# चारचोवगां मान ना

T5W1Q5



कलवंताच्या कम्रावेरी भांगाराचें नेवाळें
नाका नोतीं गळ्यां आसेत सुवर्णाचें घोसाळें
    तरय बाबा आयकात म्हाका
    संसाराक हाचें भान ना
    चारचोवगां मान ना.

गरिबाच्या गुमटावेरी सोबागेचो नादमू
तळव्यां ताल पायां नाच संगिताचो सादमू
    तरय बाबा आयकात म्हाका
    आयकतल्या कान ना
    चारचोवगां मान ना.

मळ्यांतुल्या तळ्यांतिरीं कारेण्याची रासमू
वासा ताच्या रोसा ताच्या जायत्यो व्याधी नासमू
    तरय बाबा आयकात म्हाका
    कोणाक ताचें ध्यान ना
    चारचोवगां मान ना.

दोंग्रावेल्या झरयावेरी अमृताची धारमू
गोडामिटा लवणांची आसा तांतूं थारमू
  तरय बाबा आयकात म्हाका
  कोणाक ताची तान ना
  चारचोवगां मान ना.

कोंकणिचो कवी हांव जातात म्हजीं सोभाणा
मारचे आदीं करीत आसात मोडयाचेरी रुदाना
  तरय बाबा आयकात म्हाका
  जेवणाक केदीं पान ना
  चारचोवगां मान ना.

**–चा.फ्रा.देकोस्ता.**

**कवी परिचय:**

चा.फ्रा देकोस्ता (चालस फ्रान्सीस देकोस्ता) १९३१ आक्टोबर १०, मंगळूरच्या जेप्पुंत जल्मलो.

चा.फ्रा. एक कवी आनी नाटककार म्हण चड वळकीचो. निश्टूर बोतल, भांगार मनीस, आंकवार मेस्त्री, तर्नें तर्नें मोर्नें, सुणें माजर हासता, शिरिगुंडी सिमांव, जोर्जी बुतेल आशें सुमार २० वयर नाटक बरोवन, खेळोन दाकयल्यात. मुंबंयत जाग–माग, आनी पयणारी पत्राचो संपादक जालो. १९६७ वेर मंगळूर येवन उदेव पत्र सुरू केलें.

चाफ्राच्या 'सों याचे कान' कविता झेल्याक १९८९ व्या वरसाचो केंद्रीय साहित्य अकाडेमी पुरस्कार लाबला. 'बिरिबिरी पावस' 'हाड चेडवा बुडकुलो' 'मिटाकण' ताच्यो फामद कविता.

चाफ्रा एक संघटक आनी सामाजीक वावराडी. १९९० वेर ताका 'कोंकणी साहित्य कला रत्न' म्हळ्ळें बिरूद दिलें. ३–१२–१९९२ इस्वेंत चा.फ्रा देवाधीन जालो.

**कवितेचो गूंड अर्थ:**

सामाजीक व्यवस्तेच्या दबावाक शिरकून राजांव होगडावन घेवन गुलामी मना स्थितेक सांपडल्या लोका विशीं कवी निराशी जाला. ह्या आटेविट्यांनी तळमळून वयल्या माताळ्याचेर ५ कडव्यांची कविता रचून, सामाजीक परिगती सांगाता धलच्या लोका फुडें दवरता.

गांवच्या भोंवारांतलो अनबोग जोडल्लो हो कवी आपल्या आनबोगा भंडारा थावन रुपकांचेर ही कविता गुंत्ता. आधुनिकतेच्या नांवार आदलें नेगारच्या कालेती विशीं कवीक वीट आयला. तो अशें म्हणता: कोंकणी कविचीं सोभाणा जावन आसात तरयी संसाराचें भान

नातल्लो  लोक मात मरचे आदिंच मडया रुदाना करन आसा.

देशांत व्यापाराचें उदारीकरण येंवचे आदींच कवीन ही कविता लिकल्या तरयी उदारिकरण, व्यापारी मनाभावाच्या ह्या काळार ही कविता भोव प्रस्तूत जावन कवी समाजेच्या व्यवस्तेचेर प्रवादिपणाचें, फुडाराचें(भविश्य) चिंतप उचार करताना आमका हे कवी वयर भर्म भरून येजे आसल्लो. पूण गिराकी गुलाम जाल्लो आमचो लोक सवाय बुदवंत जाल्लें हे कविते द्वारीं व्यक्त जाता.

न्हय तर गांवटी गरिबाच्या गुमटांचेर नाद, ताल, नाच, भरून आसल्यार यी, फिंगर्यांच्या संगीता सामकार आमचे कान नपंयच जाल्यात.

मळ्यांतल्या तळ्या मेरे वयल्या कारेण्या राशीक जाय त्यो पिडा गूण करची सकत आसा तरयी दोंग्रा थावन व्हाळचे झरिंत अमृत गोडा मिटा लोणांची थार आसल्यारयी 'मल्टिन्याशनल' कपनेंनी तयारिल्ल्या वकदां–उदका बोतलिंचेर आमचें ध्यान–तान खंचला. आनी ह्या आदल्या –आतांच्या झरक वादाळांत कवी तसल्याचें जेवणाचें पान उबून गेलां या मल्टिन्याशनल्यांनी वोडन काडलां म्हणता.

## अभ्यास

**I. कठीण शब्दाचो अर्थ.**

कलवंता–नाचपी; कमर– पेंकड; नेवाळें–पेंकटासूत;
नाकानोती–नांकाक घाळाची मुदी;
आसेत–आसात; सुवर्ण– भांगार; भान ना–गुमान ना; गरीब – दुबळो;
सोबाग– सोबाय; तळव्या ताल–पांयाचें पोंद; मळ्यांत– बोलें;
व्याधी– पिडा; सोभाणां– संभ्रम,आचरणां; मडे–निर्जीव कूड

**II. विरोध अर्थाचे सब्द बरय.**

| | | | |
|---|---|---|---|
| गरीब x | | मान x | |
| रुदान x | | रास x | |
| ना x | | करीत x | |
| जातात x | | | |

**III. एकामेका मेळय.**

| | | |
|---|---|---|
| १. भांगाराचें | अमृताचे धारमू | |
| २. संसाराक हाचें | जातात म्हजीं सोभाणां | |
| ३. दोंग्रावेल्या झरया वेरी नेवाळें | | |

४. कोंकणिचो कवी हांव पान ना

५. जेवणाक केदीं भाव ना

**IV. रिती सुवात भर.**

1. कलवंताच्या कम्रावेरी भांगराचें ____
2. गरिबाच्या ____ वैरी सोबागेचो नादमू
3. मळ्यांतुल्या तळ्यांतिरी ____ची रासमू
4. गोडामिटा आसा तांतू धारमू
5. कोंकणिचो कवी हांव जातात ____ म्हजीं
6. मरचे आदीं करीत आसात ____ रुदाना.

**V. एक वाक्यान जाप बरय.**

1. कलवंताच्या कम्रावेरी कितें आसा म्हण कवी सांगता?
2. गरिबाच्या गुमटावेरी कसलो नाद आसा?
3. काराण्याचो वास कितें नास करुंक सकता?
4. दोंग्रावेल्या झरयावेरी कसली धार आसा?
5. मरचे आदीं कितें करीत आसात?

**VI. दोन वा तीन वाक्यांनी जाप बरय.**

1. ह्या कवनांत खंयचें वाक्य पांच पावटीं बरयला?
2. चार चोवगां मान ना ह्या कवनाचो कवी कोण? ताच्या साहित्या विशीं बरय?
3. कारण्याचो उपयोग बरय

## VII. हे शब्द वापरन वाक्य रचन कर:

मान

रास

नाद

गुमट

सोबाणा

## VIII. घुस्पडललीं वाक्यां सार्कें कर.

1. सुवर्णाचें गळ्यां नोलें नाका घोसाळें आसेत
2. गुमटावेरी नादमू गरिबाच्या सोबागेचो
3. ताच्या व्याधी जायत्यो ताच्या वासा नास रोस
4. मडयाचेरी करत आसात रुदाना मरचे आदीं
5. बाबा म्हाका आयकात तरय

## IX. प्रास शब्द वाच.

नेवाळें – पोसाळें

नाद मू – साद मू

रास मू – नाच मू
धार मू – ढार मू
सोभाणा – रुदाना

**X. चडीत प्रास शब्द बरय.**

1. नेवाळें, घोसाळें ☐ ☐
2. सोभाणा, रुदाना ☐ ☐
3. पाना ना, मना ना ☐ ☐

**XI. पद्य पुर्तें कर.**

गरिबाच्या ..........................................................................................

..........................................................................................

..........................................................................................

..........................................................................................

.......................................................................................... मान ना

**XII. पूरक वाचपः**

चा. फ्रा. देकोस्ता ची सो याचे कान कविता संकलन वाचा ।

-----------